*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*<u>सरकारी पत्रक</u>*

## **<u>मुख्यमंत्र्याहस्तुकीं माशेलांत मुळाव्या शाळा इमारतीची पायाभरणी</u>**

ता. 5 नोव्हेंबर 2019

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज आमेयवाडा-खांडोळा, माशेल हांगा सरकारी मुळावी शाळा इमारत बांदकामाखातीर कला आनी संस्कृती मंत्री श्री. गोविंद गावडे हांच्या उपस्थितीत पायाभरणी केल

हे वेळार बेतकी-खांडोळाच्यो उपसरपंच श्रीमती अमिता वाडकर, वळवयचे सरपंच श्री. दिगंबर तारी, तिवरेच्यो सरपंच श्रीमती उन्नती नाईक, गोंय राज्य साधनसुविधां उदरगत महामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक श्री. संदीप चोडणेकर, प्रकल्प कंसल्टंट श्री. दत्तप्रसाद वागळे, शिक्षण अधिकारी शाकुंतला कुडतरकर आनी हेर अधिकारी हजर आशिल्ले.

हे वेळार उलयताना मुख्यमंत्र्यान सरकारी शिक्षण संस्थांनी आवश्यक साधनसुविधां उपलब्ध करून शिक्षणाचो दर्जो वाडोवपाचेर सरकारान भर दिल्याचे सांगून आमेयवाडा-खांडोळाच्या सरकारी मुळाव्या शाळा इमारतीचे बांदकाम सुमार 67 लाख रूपयां खर्चून थारायिल्ल्या मुजतीत पुराय करतले म्हणपाचे सांगले. तशेंच मुख्यमंत्र्यान लोकांच्या मागणे प्रमाण शाळेच्या इमारतीक तेकून अंगणवाडी खातीर वेगळी कूड बांदपाचेय उतर दिले.

कला आनी संस्कृती मंत्री श्री. गोविंद गावडे हांणी नवीन शाळा इमारत बांदकामाची पायाभरणी जाल्ले खातीर समाधान उकतावन माशेल वाठारांत चालू आशिल्ल्या विकास कामांची म्हायती दिली. सरकारी शाळांतल्या विद्यार्थ्यांक बऱ्यों शिक्षण सुविधां उपलब्ध करपाक सरकारचे प्राधान्य आशिल्ल्याचेय तांणी सांगले.

बेतकी-खांडोळाचे सरपंच श्री. दिलीप नाईक हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. श्री. मनोज नाईक हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले. शाळेचे मुख्याद्यापक श्री. संदीप सावळ हांणी निमणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/777

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA